Panaji Regional Bulletin 12th January 2025 7.25am

## पीएम युवा दिस

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज राष्ट्रीय युवा दिसा निमतान, नवी दिल्लींतल्या भारत मंडपमात जावपी 'विकसित भारत युवा फुडारी संवाद 2025' हे कार्यावळीत वांटो घेतले. तशेंच देशाच्या भावी फुडाऱ्यांक प्रेरणा दिवपाक, प्रेरीत करपाक आनी सशक्त करपाक, आयोजित केल्ल्या जायत्या कार्यावळींनी प्रधानमंत्री वांटो घेतलो. 'विकसित भारत चॅलेंजीवरवीं', वेंचून काडिल्ल्या देशभरांतल्या तीन हजार, तरणाट्या फुडाऱ्यांकडेन ते संवाद सादतले. तरणाटे फुडारी ह्या कार्यावळी वेळार विकसित भारता खातीर, आपल्या दृश्टीकोनाचे सादरीकरण दाखयतले.

## पक्षी महोत्सव

रान खात्यान 17 ते 19 जानेवारी ह्या काळांत काणकोण म्हालांतल्या खोतीगांव रानवटी जीव अभयारण्यांत 8व्या गोंय पक्षी महोत्सवाचें आयोजन केलां. तीना दिसांच्या महोत्सवांत सुकणीं मोगी आनी रानवटी जीव जाणकारांक गोंयच्या समृद्ध अशा सुकण्यांचे जिणेचो अभ्यासा करपाची संद मेळटली. तशेंच सुकण्यांचे जातींचो सांबाळ, रानवटी जीव फोटोग्राफी, पक्षी पर्यटन, सुकण्यांची जीण आनी सुकण्यांचें शास्त्रअशा विशयांचेर महोत्सवांत भर दितले.
महोत्सवाचो उक्तावण सुवाळो 17 जानेवारीक इंटरनॅशनल सेंटरा गोंय, दोनापावला जातलो. राना खात्याचे मंत्री विश्वजीत राणे हांचे हस्तुकीं, गोंय राना विकास म्हामंडळाचे अध्यक्ष आनी मुखेल सचिवांचे हाजेरेंत महोत्सवाचें उक्तावणा जातलें. ह्यावेळार गोंयच्या सुकण्यांचें जाती वयल्या दोन पुस्तकांचें विमोचन जातलें. तशेंच गोंयच्या रानवटी जीव अभयारण्यांच्या मॅस्कॉटाचें अनावरणा जातलें. महोत्सवानिमतान सुकण्यांचे जिणेचेर सुकणे तज्ञांचीं व्याख्यानां आनी चर्चासत्रां जातलीं. उत्तराखंड राना विभागाचे मुखेल रान संरक्षक आनी सुकणें तज्ञ डॉ. धनंजय मोहन, सुकणीं फोटोग्राफर इंद्रजीत घोरपडे, सुकणीं तज्ञ डॉ.
प्रणया वैद्य, पर्यावरण तज्ञ डॉ. मधुरा निफाडकर, सुकणीं तज्ञ निरवा भट हांचीं व्याख्यानां आनी चर्चासत्रां

जातलीं.

ह्या महोत्सवांत वांटेकारा जावपाक नोंदणी करपाखातीर https://birdfestival.goa.gov.in हे वेबसायटीक
भेट दिवची. नोंदणी 14 जानेवारीक बंद जातली. नोंदणी शुल्क 3500 रुपया जाल्यारा विद्यार्थ्यांखातीर
1000 रुपया आसा.

युवा मराठी साहित्य संमेलन

गोवा मराठी अकादमी दिवचला प्रभाग आनी दिवचलचें श्री शांतादुर्गा हायर सेकंडरी विद्यालय हांच्या जोडपालवान आज  12 जानेवारी दिसा युवा मराठी साहित्य संमेलनाचें आयोजन केलां.

दिवचलच्या दीनदयाळ सभाघरांत सकाळीं 9 वरांचेरा जावपी उक्तावणा सुवाळ्याक साहित्यिक राजेंद्र केरकार मुखेल सोयरे म्हण हजर आसतले. तांचेवांगडा विद्यावर्धक मंडळाचे अध्यक्षा विजय सरदेसाय, प्राचार्य अनिता आगरवाडेकारा हजर आसतली.

वेद विज्ञानम

सांखळेच्या हेडगेवार विद्यालयांत आज  12 जानेवारी दिसा देशाचे विज्ञानिक दायजाचेर आदारिल्ली ‘वेद विज्ञानम’ ही कार्यावळ आयोजित केल्या. सांखळेच्या रविंद्र भवनांत सांजे 5
वरांचेर जावपी ह्या कार्यावळिच्या उक्तावण सुवाळ्याक मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत मुखेल सोयरे म्हण हजर आसतले. तांचेवांगडा खाशेले सोयरे म्हण मयें मतदार संघाचे आमदार प्रेमेंद्र
शेट, हेडगेवार शिक्षण संस्थेचे सचिव सुभाष देसाय हजर आसतले.

बालोद्यान दिवचल

दिवचलच्या जोगीवाडी हे सुवातेर राज्य उदरगत मंडळावरवीं उबारपांत येवपी बालोद्यान केंद्राचें
काम पुराय जालां. ह्या केंद्राचो बेगीनच लोकार्पण सुवाळो जातलो. अशी म्हायती दिवचलचे
आमदार चंद्रकांत शेट्ये हांणी दिली. जोगीवाडी वाठारांत रोटरी सभाघरालागीं हो प्रकल्पा उबो
जाता. ताची पळोवणी केलेउपरांत आमदार शेट्ये उलयताले. ह्यावेळार तांचेवांगडा

उपनगराध्यक्ष दीपा पळ, नगरसेविका अपर्णा फोगेरी, अनिकेत चणेकार, हजर आसले. सुडाचे
वतीन सुमार दोन कोटी रुपया खर्चा करुन हो बालोद्यान प्रकल्प उबो जाल्ल्यान लोकांची
बरेतरेन मनरिजवण जातली, अशें आमदार शेट्ये हांणी सांगलें.

RIMC – Dehradun
राष्ट्रीय भारत लश्करी महाविद्यालय (आरआयएमसी) देहरादून हांणी खंयचेय मान्यताय प्राप्त
शाळेंत सातव्या वर्गांत शिकपी विद्यार्थ्यांकडल्यान अर्ज मागयल्यात. अर्ज करपी विद्यार्थी 11
ते 13 वर्सां पिरायेच्या गटांत आसपाक जाय.
म्हाविद्यालयाचें म्हायती पत्रकासयत अर्ज आनी पोरण्या प्रस्नपत्रिकांची पुस्तिका आरआयएमसी संकेतथळार www.rimc.gov.in चेर ऑनलायन फारीकणी करून मेळटली.
राज्य सरकारांनी अर्ज स्वीकारपाची निमाणी तारीक 31 मार्च 2025 आसा